**राष्ट्रीय खबरो**

**30.०७.२०२५ @ 6.30** pm

**वैष्णव**

**रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव हाणी सांगले की, तीन वर्साच्या अल्पावधीतच सगळ्या राज्यांक वंदे भारत ट्रेन सेवेन व्यापला  आज लोकसभेत एका प्रश्नाच्या जापेत वैष्णव हाणी माहिती दिली की सध्या देशभरात १४४ वंदे भारत ट्रेन कार्यरत आसात. वैष्णव हाणी म्हणले की, सरकार मध्यमवर्गीय आणि कमी उत्पन्न गटाच्या कल्याणा खातीर वचनबद्ध आसा. फाटल्या काय वर्सांत सामान्य श्रेणीच्या डब्यांची संख्या वाडल्या.**

---------------------------------------------

**पुरस्कार**

**पद्म पुरस्कारां खातीर नामांकना आणि शिफारसींची निमणी तारीख १५ ऑगस्ट मेरेन वाडयल्या. पुरस्कारां खातीर नामांकना फक्त राष्ट्रीय पुरस्कार पोर्टलाचेर ऑनलाइन मेळटली. प्रजासत्ताक दिसानिमित्त २०२६ क जाहीर जावपी पद्म पुरस्कार-२०२६ खातीर नामांकना या वर्सा १५ मार्चपासून सुरू जाली. पद्म पुरस्कार, पद्मविभूषण, पद्मभूषण आणि पद्मश्री, हे देशातल्या सर्वोच्च नागरी पुरस्कारांपैकी एक आसात. हे पुरस्कार विशिष्ट कार्याची दखल घेवपाचो प्रयत्न करता आणि सगळ्या क्षेत्रांमदी आणि विषयांमदी खासा आणि अपवादात्मक कामगिरी आणि सेवेखातीर दितात**

---------------------------------------------

**संचार साथी**

**संचार साथी उपक्रमाच्या मदतीन १ कोटी ३६ परस चड बनावट मोबाईल कनेक्शन खंडित केल्यात, अशे आज लोकसभेत पुरवणी प्रश्नांक जाप दितना संचार मंत्री ज्योतिरादित्य सिंधिया यांनी सांगले.  या पोर्टलाचेर ३५ लाखां परस चड लोकांनी मोबाईल चोरीच्यो कागाळी  दाखल केल्यत. त्यापैकी २१ लाखांपरस**

**चड चोरीचे मोबाईल सोदुन काडले आणि पाच लाखां परस चड मोबाईल फोन मालकाक परत केले अशी माहिती मंत्र्यांन दिली.**

---------------------------------------------

**महेश**

**फाल्स मालमत्ता ऑनलायन पोस्ट करून पर्यटकांक कोट्यांनी रुपयां खातीर फटोवपाच्या संदर्भान मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हाणी गृहमंत्री अमित शाह हांका पत्र बरयले ताका जाप दितना हे संबंदान** CBI**चो अर्थिक गुन्यांव फांटो (ईओबी),** **मुंबयन** 28 **तारखेक हो खटलो नोंद केलां आनी सद्याक ह्या प्रकरणाचो खोलायेन तपास सुरू आसा अशी जाप कोकणीतलयान पत्रा वरवि शाह हानी दिल्या. आपणे दिल्या निवेदनाचेर बेगोबेग कारवाय करून मुंबयतल्या** EOB **मार्फत गुन्याव दाखल केल्याबद्दल तांका मना काळजासावन देव बरें करूं आणि म्हज्या पत्राची जाप कोकणी भाशेंत मेळप हो भोव खोशयेचो खीण. आमच्या कोंकणीची व्याप्ती वाढटा ही अभिमानची गजाल अशी भावना मुखेल्मंत्री प्रमोद सावंत हाणी गृह मंत्री अमित शाह हाणी पत्राक केल्या जापेवीशी उलयताना व्यक्त केल्यो**

---------------------------------------------

**महेश**

चौगुले अँड कंपनी प्रायव्हेट लिमिटेड या शिपयार्डात 30 क  आयोजित केल्या समारंभात भारतीय तटरक्षक दल ICG न गर्डर उभारणी करून आपल्या पयल्या स्वदेशी एअर कुशन व्हेईकल (ACV) च्या बांधणीच्या कामाचा सुरवात  केली . विगड विगड दर्या सुरक्षेच्या कार्यवाहींत येसस्वी थारील्ले , ग्रिफॉन हॉवरवर्क डिझाइन्सचेर आधारित आशील्ले  हे हॉवरक्राफ्ट भारतीय कुशळतायेन  तयार करतात . भारताच्या सागरी प्रतिसाद क्षमता बळकट करपाच्या दिशेन व्हड पाऊल अशिल्ली हि कार्यावळ  भारतीय तटरक्षक दलाचे उपमहासंचालक महानिरीक्षक सुधीर साहनी यांच्या उपस्थितीत जालो.

--------------------------------------------

गौतम

127 वर्सांच्या दीर्घ काळा उपरांत भगवान गौतम बुध्दाचे पवित्र पिप्रहव अवशेश भारतांत परत येवपाक आयज प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी येवकार दिवन भगवान बुध्दाच्या शिकवणी बद्दल भारताक अशील्लो आदर आनी ताचो आध्यात्मिक आनी इतिहासीक दायज तिगोवन दवरपाची देशाची अखंड वचनबद्धताय अधोरेखित केली.

--------------------------------------------

**स्पोर्ट्स**

**फुटबॉलात, २०२६ च्या** A F C **बायला आशियाई कपा खातीर भारताक गट क त जपान, व्हिएतनाम आणि चायनीज तैपेई या बलाढ्य प्रतिस्पर्ध्यांसयत स्थान दिला. हो ड्रॉ काल ऑस्ट्रेलियातल्या सिडनी टाऊन हॉलात जालो**

**आजसावन सुरू जावन आणि ३ ऑगस्टमेरेन चलपी टेबल टेनिसात, भारतातले अव्वल खेळगडे** WTT **स्टार कंटेंडर ब्राझील २०२५ त भाग घेवपाक सज्ज आसात.**

--------------------------------------------

IMD

**भारतीय हवामान विभाग (**IMD) **न आज पूर्व राजस्थान आणि पश्चिम मध्य प्रदेशात घोग्यांनी ते अति घोग्यांनी पावस पडपाचो रेड अलर्ट जारी केला. हिमाचल प्रदेश, जम्मू-काश्मीर आणि उत्तराखंडात घोग्यांनी ते अतिघोग्यांनी पावसाचो ऑरेंज अलर्टय जारी केला.**

--------------------------------------------